आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या
प्रादेशिक खबरो

**20th May 2025** सकाळी -7.25

व्हीपी गोंय भेट - 100

उप राष्ट्रपती जगदीप धनखर आयज सावन, तीन दिसांच्या गोंय भोंवडेर आसतले. ह्या भेटी वेळार धनखर फाल्यां, मूरगांव बंदराक भेट दितले. थंय बंदराचे नवे प्रकल्प देशाक समर्पित करतले आनी बंदर प्राधिकरणाच्या वरिश्ठ अधिकारी आनी कर्मचाऱ्यां कडेन संवाद सादतले. तशेंच उपराष्ट्रपती बंदराचेर, कोस्ट गार्डाच्या जहाजार भारतीय दर्यादेग राखणेच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन उलोवप करतले. आयतारा ते आयसीएआर-सेंट्रल कोस्टल एग्रीकल्चरल रिसर्च इन्स्टिट्यूटांत भेट दितले आनी थंय ते प्राध्यापक वांगडी आनी शास्त्रज्ञां कडेन संवाद सादतले. तशेंच ते राजभवनाक भेट दितले, थंय चरक आनी सुश्रुत हांचे पुतळे उभारून, आयुर्वेद आनी शस्त्रक्रिया मळार तांणी केल्ल्या विशिश्ट योगदानाचो उगडास काडटलें.

**Rain Meet रश्मि ११५**

पावसाळो सुरू जावपाच्या फाटभुयेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सांवत हांच्या अध्यक्षते खाला आयज पर्वरे मंत्रालयात आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणा, महसुल खाते, भौशिक बांधकाम खाते, उदकास्त्रोत खाते, वीज, भलयाकी खाते तशेंच उजो पालोवपा दलाच्या अधिकाऱ्यावांगडा बसका जाली. ह्यावेळार महसुल मंत्री बाबुश मोन्सेरात, मुखेल सचीव वी. केन्डावेलु तशेंच वेगेवगळे खाते मुखेलि आनी अधिकारी हाजीर आशिल्ले. पावसा आदिचि कामां करपा खातीर पंचायतीक 35,000 रुपया, बी श्रेणीच्या नगरपालिकांक 60,000 रुपया आनी अ वर्ग नगरपालिका दरेकीं 1,10,000 रुपया अर्थीक वितरणाक ह्या बसकेत मंजुरी दिल्या. तशेंच पावसाच्या काळांत समर्पीत नोडल अधिकारी नेमपाचो निर्देश मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार संबंधित अधिकाऱ्यांक दिला.

**GEDA १५० रश्मि**

गोवा उर्जा विकास म्हामंडळ (जीईडीए) वतीन आयज मंत्री, आमदार , तशेचं जिल्हो पंचायत वांगड्या खातीर पी. एम सुर्यघर मुफ्त बीजली येवजणेची म्हायती दिवपाक खासा कार्यावळीचे पणजेत आयोजन केल्ले. फुडल्या कांय दिसानी गेडा वतीन गोंयच्या वेगेवगळ्या मतदारंसघानी ह्या येवजणेचो लाव लाभार्त्यांक मेळोवन दिवपाखातीर खासा शिबीरां सरकार आयोजित करतले अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोंयात सध्या 500 जाण प्रधानमंत्री

सुर्यघर येवजणेचो लाव घेतात. गोंयात 365 दिसातले 280 दिस वत आसता , ताका लागुन सौरउर्जेचो उपेग करपा खातीर गोंय राज्यात पोशक वातावरण उपलब्ध आसा अशें मुखेलमंत्र्यान म्हळा. शाळा, तशेचं घरगुती उपेगाखातीर ह्या येवजणेवरवी सोलर पॅनला घालपाक जावपी 50 टक्के खर्च सवलतीच्या केंद्र सरकार दिता.

**PM Mann Ki Baat** ५०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 25 मेक आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यावळींतल्यान देशवासिया कडे आपले विचार मांडतले. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 122 वो भाग आसतलो. लोक ह्या कार्यावळी खातीर ह्या म्हयन्याच्या 23 तारखे मेरेन आपल्यो कल्पना आनी सुचोवण्यो 1800-11-7800 नंबराचेर धादु शकतात तशेंच नरेंद्र मोदी ॲप वा मायगॉव ओपन फोरम वरवीं आपलें विचार नोंद करू शकतात.

**Maji Bus -** १३५ रश्मि

म्हजी बस येवजणेवरवी गोंय कदंबा म्हामंडळ खासगी बसींक कदंबा म्हमंडळाअंर्तगत घेतले. जे खासगी बस ओपरेटर इत्सुक आसा तांका ह्या येवजणेचे अर्ज कदंबा बस स्टेण्डाच्या कार्यालयांनी तशेंच कदंबाच्या डेपोनी उपलब्ध आसतले अशी म्हायती कदंबा म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक रोहन कासकार हांणी पत्रकार परीशदेत दिल्या. ह्या येवजणेचो लाव घेवपी खासगी बस ओपरेटरांक प्रती किलो मीटर तीन रुपयाची सवलत, तशेचं वर्सुकी विम्याचेर 30 हजाराची अर्थिक मजत दितले. हे शिवाय 15 वर्सा उपरांत स्क्रेपाक काडील्ला 27 वा त्यानपरस चड सीटर आशिल्लया बसींक नवी बस घेवपाक 10 लाख रुपया मेरेन अर्थिक मजत दितले अशी म्हायती कासकार हांणी दिल्या. गोंयची भौशिक येरादारी सेवा सुटसुटीत करपाच्या हेतान सराकरान 15 मे सांवन म्हजी बस येवजण चाली लायल्या. कदंबाच्या बसीचो पास ह्या येवजणेचो ला घेतिल्लया बसीक लागु जातलो. ताका लागुन प्रवास करपी गिऱ्हायकाक लेगीत पास सिस्टमीचो , तशेंच स्मार्ट कार्डाचो बरो फायदो जातलो अशे तांणी म्हणला.

**Rai Panchayat -** 90 सुशांत

राय पंचायतीचे उपसरपंच गॉडफ्रे ओझवल्ड सौझा हांचे आड दाखल केल्लो अविस्वास थाराव आयज ६ आड ५ मतांनी संमत जालो. रायचे सरपंच मारियो डिसोझा हांणी शेनवारा आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्लो. ते उपरांत रोखडोच सोमारा उपसरपंच सौजा हांकां काडून उडयले. राय पंचायत ही 11 वांगड्यांची पंचायत आसून तातूंतल्या स वांगड्यांनी ह्या थारावाक मान्यताय दिली.

**Anti - Terrorism Day ३०**

21 मे क “आतंकवाद विरोधी दीस” पाळतले. आतंकवाद विरोधी दिसा सकाळी 11.00 वरांचेर सचिवालयात आयोजीत कार्यक्रमात भारताचे आदले प्रधानमंत्री सर्गेस्त राजीव गांधी हांच्या फोटवाक मुख्य सचीव फुलांहार घातले आनी सचिवालयातल्या कर्मचाऱ्यांक आतंकवाद विरोधी सोपूत दितले.

टेबल टेनिस -

कतारांतल्या दोहा शारांत जाल्ल्या, संवसारीक टेबल टेनिस चॅम्पियनशिप फायनल सर्तींत, भारताची दिया चितळे आनी यशस्विनी घोरपाडे हांणी बायलांच्या दोट्टी सर्तीच्या प्री-क्वार्टर फायनलींत, पावलं घाला.

**हवामान 100**

हवामान खात्यान आयज सावन फुडले ३ दीस राज्यांत वादळी वार्यासयत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या. ते प्रमाण फुडल्या तीन दीसांखातीर पावसाचो यलो एलर्ट जालीं केला. 19 तें 23 मे मेरेन हलको पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. हवामान खात्यांत दिल्ल्या म्हायती प्रमाण आयज पणजेंत चडांत चड तापमान ३४.२ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 24 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.